# राज्य युवा पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 18 सप्टेंबर 2025

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज नमुनो, पात्रतायेचे नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा. इत्सूक युवकांनी ते डावनलोड करून घेवपाक जाता.

पात्र युवक, आपवावूरपी संस्थां आनी हेरांनी पुराय भरिल्ले अर्ज केल्ल्या सेवेचे प्रमाणपत्र आनी दाखल्या सयत ता. 17 ऑक्टोबर 2025 मेरेन खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा सुपुर्द करचे. अदीक म्हायती खातीर एपीईओ श्रीमती सिंथिया सिक्वेरा, मो. नं. 9823393657 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/763

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.